अक्षता बोडके प्रादेशिक 03.05.2025 @ 7.25 am

NSD 130

संवसरीक द्रुक श्राव्य आनी मानरीजवण शिखर परिषद व्हेवज कार्यक्रमा वेळार, माहिती आणि प्रसारण (आय अँड बी) मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी हो एक ऐतिहासिक रीण आशिल्याचे म्हणले आणि सांगले की, पयलेच खेप फक्त सर्जनशीलते खातीर पुरस्कार दितातकार्यक्रमा वेळार, माहिती आणि प्रसारण (आय अँड बी) मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी हो एक ऐतिहासिक रीण आशिल्याचे म्हणले आणि सांगले की, पयलेच खेप फक्त सर्जनशीलते खातीर पुरस्कार दितात. तांणीअधोरेखित केले की या उपक्रमा वरवी निर्माते नवीन संधींच्या जगात पावल दवरता .आकाशवाणी न्यूजकडे उलयताना , संगीताच्या वाह उस्ताद श्रेणीतले विजेते आबाद अहमद हाणी म्हळे की, वेव्हजान शास्त्रीय संगीताच्या वाढी खातीर आणि प्रचाराक एक व्यासपीठ उपलब्ध करून दिल्या

ॲनिमेशनच्या अनरिअल सिनेमॅटिक्स चॅलेंज श्रेणीतले विजेते संजय सेंथिल कुमार हाणी आकाशवाणी न्यूजक सांगले की, वेव्हजन दिले मार्गदर्शन तांका इफेक्ट्स आर्टिस्ट आणि थ्रीडी पत्रकार जावपाचे स्वप्न पूराय करपाक मदत करतले. फामाद चित्रपट अभिनेता शाहरुख खान हाणीय आपले विचार उक्तायले.

रश्मि 120

गोंय पुलिशेच्या deep trace एपाचे आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले. ह्यावेळार पुलिस म्हासंचालक आलोक कुमार ,तशेंच उत्तर गोंय पुलिस अधिक्षक राहुल गुप्ता हाजीर आशिल्ले. डीप ट्रेस हो ओन लायन चवकशी करपाक महत्वाचे थारपी एप आसा अशे पुलिस म्हासंचालक आलोक कुमार हांणी म्हणला. सायबर क्रायमाची फास्ट ट्रेक चवकशी करपाक ही यंत्रणा महत्वाची थारतली अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. पुलिशेक लागपी सगळी यंत्रणा गोंय सराकरान पुलिस खात्याक दिल्या. ए. आय लॅब सुविधा लेगीत गोंय पुलिशेकडे आसा. पुलिस खात्यात quick pass system, cloud based helpline center, ह्या

सारख्या सुविधांक गोंयकारां कडल्यान बरो प्रतिसाद मेळटा. तंत्रगिन्यानाचो उपेग करुन गुन्हावाचो सोद लावपाच्या नदरेतल्यान गोंय पुलिस काम करता. गोंयात जावपी गुन्ह्याव नियंत्रणात दवरपाक पुलिस खाते बरे काम करता अशे मुखेल मंत्र्यान म्हणला.

राजेश 110

गोय महाराष्ट्र तशेच कर्नाटक राज्यातली एक फामाद जत्रा अशील्ली शिरगावची श्री लइराई देवीची वर्सुकी जत्रा काल सावन सुरुवात जाली. गोंय भर तशेच कर्नाटक आणि महाराष्ट्राच्या सीमावरती भागात देवी लयराईचे असंख्य धोणांनी देवीचे कठोर व्रत धरला. काल मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे, मयेचे आमदार प्रेमेंद् शेट हाणीं देवीचें दर्शन घेतलें.

**हवामान 45**

**पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 35.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 28.2 डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता 71 % नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस 35-28 डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि फुडले चार दिस हवामान वताळ आनी काय प्रमाणात ढगाळ असतले अशे वेधशाळेन कळीत केला**

आयपीएल

आयज कर्नाटकांतल्या बेंगळुरू हांगाच्या एम.चिन्नास्वामी स्टेडियमाचेर येजमान रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी चेन्नय सुपर किंग्स हांचे मंदी मॅच जातली ही मॅच सांजवेळा 07:30 वरांचेर ही सुरू जावपाची आसा.